Panaji National 2nd August 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज वाराणसीत PM-KISAN येवजनेचो विसावो हफ़्तो जारी करतले. सुमार 2200 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.

- 73 मुखेल गर्दी आशिल्ल्या रेल्वे स्टेशनांचेर स्टेशन डायरेक्टर नेमतले अशे रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलां.

- 71वे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार जाहीर जाल्यात. शाहरुख खान आनी विक्रांत मॅसीक  उत्कृश्ट अभिनेतो आनी रानी मुखर्जीक उत्कृश्ट अभिनेत्री पुरस्कार फावो जाल्यात.

- मकाऊ ओपन बॅडमिंटन सर्तींत आज दादल्यांच्या एकोडी गटाच्या सेमीफायनलीत भारताचे लक्ष सेन आनी थारुन मन्नेपल्ली खेळटले.

PM – 115

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसी ह्या आपल्या संसदीय मतदारसंघांत सुमार 2200 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वाराणसीत PM-KISAN येवजनेच्या विसाव्या हप्त्याअंतर्गत ९ कोटी ७० लाखां वयर शेतकऱ्यांक २०,५०० कोटी रुपया मायज जारी करतले. मोदी  ह्या वेळार उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वाराणसीत   वाराणसी भेटी वेळार प्रधानमंत्री जायत्या मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. वाराणसी-भादोही रोड आणि चिटोनी-शूल टंकेश्वर रोडच्या रुंदीकरणाचे उक्तावण करतले आणि हरदत्तपूरात रेल्वे ओव्हरब्रिजचे उद्घाटन करतले. पर्यटन क्षेत्राक चालना दिवपाखातीर, मोदी न्हंयचे देगेर आठ कच्च्या घाटांच्या पुनर्बांधणीचे आणि कालिकाधामात विकास कामाचे आणि दुर्गाकुंडत जलशुद्धीकरण कामाचे उक्तावण करतले. ते कर्दमेश्वर महादेव मंदिर, सारनाथ हांगा शार सुविधा केंद्रचे उद्घाटन करतले.

External affairs – 85

भारताच्या संरक्षण गरजांचे सोर्सिंग फकत देशाच्या राश्ट्रीय सुरक्षा गरजे प्रमाण आनी रणनितीच्या मुल्यांकनांतल्यान थारता अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलें. मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांकडेन संवाद साधतना संरक्षण खरेदी विशीं विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना अशें सांगलें. उर्जा स्त्रोतां विशीं प्रवक्त्यान सांगलें, बाजारांत उपलब्धताय आनी सध्याचे संवसारीक परिस्थिती प्रमाण भारत कार्य करता. भारत-रशिया संबंदा विशीं जयसवाल हांणी सांगलें, वेगवेगळ्या देशां कडेन आशिल्ले द्विपक्षीय संबंद आप आपल्या स्वताच्या गुणवत्तेचेर आदारीत आसात आनी खंयच्याच तिसऱ्या देशाच्या नजरेतल्यान पळोवंक फावना.

Indian Ocean Region - 50

हिंद महासागर वाटारातल्या देशां कडेन भारताचे राजकी संबंद घटमूठ आसात, आनी वेपार आनी गुंतवणूक हांचे संबंद वाडत आसात अशें केंद्रीय परराश्ट्र राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हाणी सांगलां. काल लोकसभेत एका लेखी जापेत मंत्र्यांनी हे सांगले. तांणी सांगलें, उदरगत प्रकल्प आनी मुळाव्या साधनसुविधांचो सहकार देशां बरोबर फुडें वता, आनी सगळ्या क्षेत्रांनी व्यापक सहभाग आसा.

Railway – 95

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलां, 73 मुखेल गर्दी आशिल्ल्या रेल्वे स्टेशनांचेर स्टेशन डायरेक्टर नेमतले, जे उत्सवांच्या काळांत स्टेशनाचेर गर्दी उणी करपा खातीर त्वरित निर्णय घेवंक शकतले. काल राज्यसभेंत लेखी जापेत वैष्णव हांणी सांगलें, स्टेशनां भायर कायम स्वरूपी होल्डिंग एरिया आनी रुंद फूट ओव्हर ब्रिज तयार करून गर्दी व्यवस्थापन सुदारतले. पाच स्थानकांचेर होल्डिंग एरिया बांधपाचो पायलट प्रोजेक्ट सुरू आशिल्ल्याचे तांणी सांगले. प्रमुख स्थानकांवर सीसीटीव्ही देखरेख, वॉकी-टॉकी घोषणा प्रणाली आनी वार रूम्स स्थापन करतात. फकत confirm तिकेटधारकांकच प्लॅटफॉर्मांचेर वचपाक मेळटलें अशें तांणी सांगलें. तिकेट नाशिल्ल्या आनी वेटलिस्टांतल्या प्रवाशांनी गाडी येय मेरेन भायल्या वेटिंग रुमांत रावचें पडटलें.

Gadkari – 30

केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांकां आयज पुण्यांत जाल्ल्या कार्यावळींत 43वो लोकमान्य तिळक राष्ट्रीय पुरस्कार भेटयलो. हो पुरस्कार लोकमान्य तिलक मेमोरियल ट्रस्ट राष्ट्राच्या प्रगतींत म्हत्वाचो योगदान दिवपी व्यक्तींक दितात.

National film – 110
71वे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार जाहीर जाल्यात. 12th Fail ह्या हिंदी फिल्माक सर्वोत्कृष्ट फीचर फिल्मचो पुरस्कार फावो जालो. काल सांजवेळार नवी दिल्लींत पुरस्कार जाहीर करतना फीचर फिल्म ज्युरीचे अध्यक्ष आशुतोष गोवारीकर हांणी सांगलें, शाहरुख खान आनी विक्रांत मॅसीक जवान आनी १२th फेल खातीर उत्कृश्ट अभिनेतो विभागांतले राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार फावो जाल्यात. ताणें सांगलें, रानी मुकेर्जीक मिसेस चॅटर्जी वर्सेस नॉर्वे ह्या सिनेमांतल्या अभिनया खातीर सर्वोत्कृष्ट अभिनेत्री पुरस्कार फावो जाला. नॉन-फीचर फिल्म श्रेणीखातीरच्या ज्युरीचे अध्यक्ष पी. शेषाद्री हाणें सांगले, सौम्यजीत घोष दस्तीदार दिग्दर्शित "फ्लावरिंग मैन" क सर्वोत्कृष्ट नॉन-फीचर फिल्म पुरस्कार फावो जाला. ताणें म्हणलें, पीयूष ठाकुराक बेस्ट डायरेक्शन पुरस्कार मेळ्ळा. शेशाद्री हांणी सांगलें, God Vulture and Human हाका सर्वोत्कृष्ट माहितीपटाचो पुरस्कार मेळ्ळा.
Marathi – 55
काल जाहीर झालल्या ७१ व्या राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कारांत 'नाळ २' या मराठी चित्रपटाक २०२३ वर्साचो सर्वोत्कृष्ट बालचित्रपट पुरस्कार फावो जाला. झी एंटरटेनमेंट एंटरप्रायझेस आणि आटपट प्रॉडक्शन्स निर्मित या चित्रपटाचे दिग्दर्शन सुधाकर रेड्डी यक्कांतीन केला. या चित्रपटाक सर्वोत्कृष्ट बाल कलाकाराचो पुरस्कारुय मेळा. तृषा ठोसर, श्रीनिवास पोकळे आणि भार्गव जगताप हांका जोड रित्या तो फावो जाला.
Prez – 60
२०४७ त विकसित भारताचे स्वप्न साध्य करपाखातीर आयआयटी-आयएसएम धनबादच्या पदवीधर विद्यार्थ्यांक उत्प्रेरकची भूमिका बजावपाचे आवाहन राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी केले. झारखंडच्या तांच्या दोन दिसांच्या दौऱ्याच्या दुसऱ्या दिसा, धनबादात जालल्या इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी - इंडियन स्कूल ऑफ माइन्स धनबादच्या ४५ व्या दीक्षांत सुवाळ्यात राष्ट्रपती

उपस्थित आशिल्ल्यो.मुर्मू हाणी संगणक विज्ञान आणि अभियांत्रिकीत प्रथम क्रमांक मेळोवपी बी.टेक पदवीधर प्रियांशु शर्मा हाका राष्ट्रपती सुवर्णपदक प्रदान केले.

BYTE

IMD – 60

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, अस्तंत बंगाल, सिक्किमात आयज काय सुवार्तीनी अति मुसळधार पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला. अरुणाचल प्रदेश आनी बिहारात काय सुवार्तीनी मुसळधार ते अति मुसळधार पावस पडपाचोय अदमास उक्तायला. फुडले दोन दीस छत्तीसगढ, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, उत्तर प्रदेश, आनी उत्तराखंडात घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Badminton – 60

मकाऊ ओपन बॅडमिंटन सर्तींत आज दादल्यांच्या एकोडी गटाच्या सेमीफायनलीत भारताचे लक्ष सेन आनी थारुन मन्नेपल्ली खेळटले. लक्ष्य सेन इंडोनेशियाच्या आल्वी फरहान आड खेळटलो, जाल्यार तरुन आनी मलेशियाचे जस्टीन होह ह्ये हांचे मदीं खेळ जातलो.

बायलांच्या एकोडी गटांत डेन्मार्कची लायन क्रिस्टोफरसन, जपानची रीको गुंजी, चीनाची यु फेई चेन आनी चीनी ताइपेची सियांग टी लिन हांणी निमाण्या चारांत सुवात मेळयली. आज ह्यो मॅची जातल्यो.

Divya – 15

केंद्रीय खेळां मंत्री मनसुख मांडवीया हाणी काल नवी दिल्लींत बुध्दिबळ खेळगडे दिव्या देशमुखाचो सत्कार केलो

Dahi Handi –80

गोकुलाष्टमी वेळार जावपी दही हांडी उत्सवांत वांटो घेवपी देड लाख गोविंदां खातीर महाराष्ट्र सरकारान विमो कव्हरेज जाहीर केलां. तांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकार द ओरिएंटल इन्शुरन्स कंपनीमार्फत प्रति सहभागी ७५ रुपये दरान विमा खर्च सोसतले. मानवी पिरॅमिड तयार करतना अनेकदा दुखापत जालल्या गोविंदांक आधार दिवप हे या धोरणाचे उद्दिष्ट आसा. हे खातीर खेळां उदरगत निधींतल्यान 1.12 कोटी रुपयांची रक्कम दितले.

महाराष्ट्र राज्य दही हांडी गोविंदा असोसिएशन आनी खेळां आनी युवा सेवा खात्या बरोबर समन्वयान ही येवजण चालीक लावपाची आसा.

Kolhapuri Chappal – 60

पारंपारीक कोल्हापुरी चप्पलां खातीर दोन सरकारी कंपनींक भौगोलिक संकेत वा जीआय दिवपाची अधिकृतपणान पुष्टी जाल्या.ह्या कंपनींनी महाराष्ट्रांतली संत रोहिदास लेदर इंडस्ट्रीज आनी चर्मकार डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन लिमिटेड (लिडकॉम) आनी कर्नाटकांतली डॉ. बाबू जगजीवन राम लेदर इंडस्ट्रीज डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन लिमिटेड- लिडकार हांचो आस्पाव जाता. इटालियन फॅशन ब्रँड प्रादान आपल्या समर कलेक्शनांत कोल्हापुरी चप्पल सारकीं चामड्याचीं चप्पलां दाखयल्या उपरांत हे पावलं उबारला.